# गोवा कोंकणी अकादेमी
## पणजी– गोंय
## येवजणेचें नांव : साहित्य प्रभा

( प्रस्थापीत आनी प्रथीतयश लेखकाच्या कोंकणी पुस्तकाक 70% अर्थीक पालव )

## अर्जीपत्र

1. लेखकाचें नांव आनी पत्तो : ---------------------------
---------------------------
---------------------------
2. प्रकाशकाचें नांव आनी पत्तो : ---------------------------
---------------------------
3. लेखकाचें मान्यताय पत्र ( प्रकाशकान पुस्तक सादर केल्यार) : ---------------------------
4. साहित्य प्रकार : ---------------------------
5. हातबरपाचें नांव : ---------------------------
6. आजवेर पुस्तकां छापून आयल्यात त्या पुस्तकांचीं नांवां (चड आसल्यार वळेरी जोडची.) : ---------------------------
7. पत्रवेव्हाराचो पत्तो आनी फोन नं. : ---------------------------
---------------------------
---------------------------

* हांवें हे येवजणेची नेमावळ वाचल्या आनी ती म्हाका मान्य आसा.

* हें म्हजें स्वताचें साहित्य आसा.

तारीख : ----------

-------------

अर्जदाराची सय

( अर्जीपत्र पावपाची निमणी तारीख :- 5/10/2023 --- )

* अर्जीपत्रा सांगाताक जोडल्यात.

1) हातबरपाच्यो टायपसेट केल्ल्यो तीन प्रती
2) लेखकाचें मान्यताय पत्र
3) खात्रीपत्र

# गोवा कोंकणी अकादेमी

## पणजी– गोंय

## येवजणेचें नांव : साहित्य प्रभा येवजण

( प्रस्थापीत आनी प्रथीतयश लेखकाच्या कोंकणी पुस्तकाक 70% अर्थीक पालव )

* **येवजणेचें वर्स** : 2023 - 2024
* येवजणेचो उद्देस : प्रस्थापीत आनी प्रथीतयश लेखकाचें कोंकणी पुस्तक उजवाडाक येवचें आनी कोंकणी साहित्यांत दर्जेदार पुस्तकांची भर पडची.

**येवजणेचे नेम :**

1. हे येवजणेखाला देवनागरी आनी रोमी लिपींतलीं टायपसेट केल्ली हातबरपां पात्र आसतलीं. लेखक वा प्रकाशक हे येवजणेखाला अर्ज करूंक शकता.

2. हे येवजणेखाला निवड जाल्ल्या पुस्तकाच्यो 500 प्रती छापपाक अकादेमी छापणावळीचो 70% खर्च प्रकाशकाक/ लेखकांक दितली.

3. हे येवजणेखाला बालसाहित्याचीं हातबरपां पात्र आसचीं नात.

4. हे येवजणेखाला हातबरपां धाडटा त्या लेखकाचें निदान एक तरी कोंकणींतलें ललीत साहित्याचें दर्जेदार पुस्तक आदीं उजवाडाक आयिल्लें आसूंक जाय.

5. लेखनाचो दर्जो पळोवन समिती हे येवजणेखाला हातबरपांची निवड करतली. उण्या दर्जाचीं हातबरपां हे येवजणेंत आस्पावन घेवचीं नात.

6. अकादेमीची साहित्य निवड समिती हातबरपां छापपाखातीर शिफारस करतली.

7. हे येवजणेखाला अकादेमीकडेन सादर केल्ले हातबरप टायपसेट केल्लें आसूंक जाय. हातान बरयिल्लें हातबरप तशेंच छापील कात्रणाच्या प्रतींचो विचार जावचो ना. तशेंच अर्जा वांगडा टायपसेट केल्ल्यो 3 प्रती सादर करपाक जाय.

8. पुस्तकाचीं छापील पानां कमीत कमी 100 आनी चडांत चड 150 मेरेन आसपाक जाय. पूण पानांचे संख्ये संबंदी समितीचे शिफारसीप्रमाण निर्णय जातलो. ( खास करून जाची पानां उणी करप अडचणीचें जाता अशा कादंबरी सारख्या प्रकारांचेर)

9. हे येवजणेखाला मान्य जाल्ल्या पुस्तकाच्या लेखकाक प्रती वा मानधन अकादेमी दिवंची ना. अर्जदार प्रकाशक आसल्यार ते संबंदीचो वेव्हार स्वता लेखकान प्रकाशकाकडेन करचो पडटलो.

10. हे येवजणेखाला अर्ज प्रकाशकान सादर केल्यार, सादर केल्ल्या हातबरपावांगडा ताणें संबंदीत लेखकाचें छापणावळी खातीरचें मान्यतायपत्र अकादेमीक सादर करचें पडटलें.

11 हे येवजणेखाला एका लेखकाक वर्साक एकाच पुस्तकाक अकादेमी अर्थीक पालव दितली.

12. गोवा कोंकणी अकादेमीकडल्यान लेखकाक ज्या पुस्तकाक अर्थीक पालव मान्य जाला, त्या पुस्तकाखातीर खंयचेय दुसरे संस्थेकडल्यान वा व्यक्तीकडल्यान छापणावळीक अर्थीक आदार घेवपाक मेकळीक आसचीना.

13. अर्थीक पालव मंजूर जाल्ले तारखेसावन तीन म्हयन्या भितर पुस्तक छापून येवचे पडटलें. नाजाल्यार मंजूर जाल्लो अर्थीक पालव रद्द जातलो.

14. खंयचेय प्रक्रियेवेळार, अकादेमीच्या खंयच्याय नेमाचो अर्जदाराकडसून भंग जाला अशें अकादेमीचे नदरेक आयलें तर मान्य जाल्ली रक्कम आडावन दवरप, रद्द/उणें करप वा दिल्ल्या अनुदानाची व्याजासयत वसुली करपाचो अधिकार अकादेमी राखून दवरता.

15. वयलो खंयचोय नेम बदलपाचो वा रद्द करपाचो अधिकार अकादेमी राखून दवरता.

• ******************